# राज्यपालांची आशा महल पुनर्वसन केंद्राक भेट

ता. 29 ऑक्टोबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज तिसवाडी तालुक्यातल्या ताळगांव हांगाच्या "आशा महल" ह्या निराधार बायलो आनी अनाथ भुरग्यांच्या पुनर्वसन केंद्राक महसूलमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात हांच्या वांगडा भेट दिली.

ह्या वेळार राज्यपालान आशा महल ट्रस्टाक अर्थीक मजत भेटयली तशेंच तिसवाडी तालुक्यातल्या चार डायलिसिस दुयेंतींक अर्थीक मजत दिली.

राज्यपालान आशा महल पुनर्वसन केंद्रात निराधार बायलो आनी अनाथ भुरग्यांची काळजी घेवपा खातीर करपात येवपी सेवेची तोखणाय केली आनी आपूण गोंयांतल्या सगळ्या परोपकारी संस्थांक भेट दिवपाचे चालू दवरतलो अशें सांगलें.

राज्यपालान आशा महल पुनर्वसन केंद्राक भेट दिवन केंद्राक अर्थीक मजत केल्लेखातीर महसूलमंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात हांणी तांचे उपकार मानले.

ट्रस्टाच्यो आदल्यो अध्यक्ष श्रीमती संध्या श्रीवास्तव, उपाध्यक्षा श्रीमती मनीषा नायक, वांगडी श्रीमती रीता मगनलाल, राज्यपालांचे सचिव श्री मिहीर वर्धन ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

आशा महल केंद्राचे अध्यक्ष श्री नितीन मगनलाल हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/906

Issued by Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji